# सुकूर हांगा सरकारी येवजणो जाग्रृती शिबीर

ता. 19 जानेवारी 2018
29पौष 1939

राज्य कायद्दो सेवा प्राधिकरणान उत्तर गोंय जिल्हो कायद्दो सेवा प्राधिकरणाच्या सहकार्यान फाल्या ता. 20 जानेवारी दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर सुकूर ग्रामपंचायत सभाघर सुकूर-पर्वरी हांगा लोकांक वेगवेगळया सरकारी येवजणांची म्हायती दिवपाखातीर खास शिबिराचे आयोजन केला. हया शिबिराक वेगवेगळया सरकारी खात्यांचे अधिकारी हजर रावन लोकांक येवजणांची म्हायती दितले. तशेंच येवजणांचे अर्ज स्वीकारतले.

लोकांनी हया शिबिरात सहभागी जावन सरकारी येवजणांचो लाव घेवचो, अशें सचिव ॲड. शबनम शेख हांणी मागला.